नमस्कार आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date : 02 /12/2025

राष्ट्रीय खबरो

8.40 PM

मुखेल खबरो

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी श्रीलंकेचे राष्ट्रध्यक्ष अनुरा कुमार दिस्नानायके व्यंगडा फोनाचेर उलवोप केले

मोबायल हँडसेटांच्या प्रमाणीकरना तपासपा खातीर मोबायल फोनाचेर संचार साथी ॲप प्री-इन्स्टॉल करपाची सुचोवणी सरकारान जारी केल्या.

काशी-तमिळ संगमाची चवथी आवृत्ती आयज उत्तर प्रदेशांतल्या वाराणसीत सुरू जाता

अटल पेन्शन येवजणे खाला 8.34 कोटी वयर लोकांनी नोंदणी केल्या आशे काल लोकसभेंत एका प्रस्नाक जाप दितना अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सांगलें,.

चिलींतल्या सैंटियागोत जल्या बायलांच्या एफआयएच हॉकी

ज्युनियर वर्ल्ड कप सारतीत भारतान नामिबियाचेर १३आड -०

अशे जैत जोडले

प्रधानमंत्री

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी श्रीलंकेच्या अध्यक्ष अनुरा कुमार दिस्नानायके व्यंगडा फोनाचेर उलयतना ऑपरेशन सागर बंधु खाला बाधितांक आदार आनी मजत दिवपा खातीर श्रीलंकेक भारताचो आदार चालूच उरतलो अशे आश्वासन दिल . श्री मोदी हांणी आपल्या व्हिजन ओशन

आनी पयलो  प्रतिसाद दिवपी भुमिके प्रमाण भारत फुडल्या दिसांनी गरजेची सगळी मजत दितलो अशें आश्वासन दिलें, मजगती राष्ट्राध्यक्ष डिसनायके हाणी  भारतान दिल्ल्या मजती खातीर खोलायेन उपकार मानले . भारतान वेळार आनी प्रभावी प्रतिसाद यत्न केल्ल्या खातीर श्रीलंकेच्या लोकांचीय तोखणाय केली. दित्व चक्रीवादळाक लागून  श्रीलंकेंत जाल्ल्या लुकसाणीविशी प्रधानमंत्र्यान दुख्ख उक्तायलें. ह्या गरजेच्या वेळार श्रीलंकेच्या लोकांव्यंगडा  भारतांतले लोक घटमूट एकचार आनी आदारान उबे आसात अशें तांणी सांगलें.

मोबायल हँडसेटांच्या  प्रमाणीकरना तपासपा खातीर मोबायल फोनाचेर संचार साथी ॲप प्री-इन्स्टॉल करपाची सुचोवणी सरकारान जारी केल्या. भारतांत वापरपा खातीर तयार केल्ल्या वा आयात केल्ल्या सगळ्या मोबायल हँडसेटांचेर मोबायल हँडसेट निर्मात्यांक आनी आयात करप्यांक संचार साथी मोबायल ॲप्लिकेशन प्री-इंस्टॉल करपाचो  आदेश  दूरसंचार खात्यान दिला. प्री-इंस्टॉल केलेले संचार साथी ॲप्लिकेशन पयल्या वापरांत वा डिव्हायस सेटअप करतना निमाण्या वापरप्यांक सहजपणान दिसपाक जाय आनी मेळपाक जाय अशें खात्यान सांगलां. भारतांत पयलींच तयार केल्ल्या आनी विक्री खातीर आशिल्ल्या डिव्हायसांचेर सॉफ्टवेअर अपडेटा वरवीं हो ॲप चालीक लावपाचो निर्देश खात्यान मोबायल निर्मात्यांक आनी आयात करप्यांक दिला. 90 दिसां भितर अंमलबजावणी पुराय करून 120 दिसां भितर अहवाल सादर करपाचो निर्देश खात्यान दिला.

काशी-तमिळ संगमाची चवथी आवृत्ती आयज उत्तर प्रदेशांतल्या वाराणसीत सुरू जाता. केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान आनी उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ  संयुक्तपणान ह्या कार्यावळीचें उक्तावण करतले. उत्तर आनी दक्षिण हांचेमदले संबंद घट करप हो  ताचो हेत आसा. काशी-तमिळ संगमाचो भव्य उक्तावण सुवाळो आयज सांजवेळा नमो घाटार जातलो.

फाटल्या म्हयन्यांत वट्ट माल आनी सेवा कर (जीएसटी) वसुली 0.7 टक्क्यांनी वाडून नोव्हेंबर 2024 च्या तुळेंत 1.70 ट्रिलियन रुपया परस चड जाल्या.फाटल्या वर्साच्या ह्या च काळांत वट्ट जीएसटी येणावळ 1.69 ट्रिलियन रुपया आशिल्ली. ऑक्टोबरांत केंद्रीय जीएसटी वसुली

₹34,843 कोटी आनी राज्य जीएसटी वसुली ₹42,522 कोटी आशिल्ली. एकत्रीत आयजीएसटी वसुली ₹92,910 कोटी आनी सेस वसुली ₹466 कोटी आशिल्ली.

पेन्शन येवजणे खाला 8.34 कोटी वयर लोकांनी नोंदणी केल्या आशे काल लोकसभेंत एका प्रस्नाक जाप दितना अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण ह्यांणी सांगलें,. हातूंत 48 टक्के बायलो आसात. मे 2015 वर्सा सुरू केल्ले हे येवजणेचो हेत नागरिकांक, खास करून असंघटीत क्षेत्रांतल्या कामगारांक, सार्वत्रिक समाजीक सुरक्षा वेवस्थेवरवीं सशक्त करपाचो आसा. सरकार आनी पेन्शन फंड रेग्युलेटरी अँड डेव्हलपमेंट ॲथॉरिटीन (पीएफआरडीए) घेतिल्ल्या जायत्या उपक्रमांक लागून हे येवजणे विशीं जागृताय वाडल्या अशी म्हायती अर्थमंत्रीनी  सभाघरांत दिली. नाबार्ड, एनसीएफई, राष्ट्रीय आनी राज्य ग्रामीण उदरनिर्वाह मोहीम  ह्या सारक्या जायत्या संघटनांनीय जागृताय मोहिमेक आदार दिला.

दिल्लीच्या कार बॉम्ब स्फोट प्रकरणांतल्या चवकशेच्या आदारान राष्ट्रीय तपास संस्थेने जम्मू-काश्मीर आनी उत्तर प्रदेशांतल्या अटल जायत्या सुवातींनी शोद  घेतला. जम्मू-काश्मीरांतल्या शोपियन, कुलगाम, पुलवामा आनी अवंतीपोरातल्या आठ  आनी लखनौच्या एका सुवातींनी सोद घेतील्ल्याची म्हायती संस्थेने दिल्या. तपासांत डिजिटल साधनां आनी हेर गुन्यांवकारी साहित्य जप्त केला  .

फाटल्या म्हयन्यांत संस्थेने हरियाणातल्या  फरीदाबादच्या अल फालाह विद्यापिठाच्या परिसरांत आनी हेर सुवातींनी मुखेल आरोपी डॉ.मुझम्मील शकील गानी आनी डॉ.शाहीन सईद हांच्या आवारांत सोद घेतलो. ह्या प्रकरणांत आतां मेरेन सात मुखेल आरोपींक अटक केल्यात . दिल्ली स्फोटांत वांटो घेवपी दरेका आरोपीक अटक करपा खातीर ही एजन्सी वेगवेगळया राज्य पुलीस दळां वांगडा लागींच्यान वावुरता.

तेलंगणा सरकारान सरकारी मालकीच्या रस्तो येरादारी म्हामंडळाच्या बशींत 448 नवी बशी जोडपाची घोशणा केल्या. ह्यो बशी आप  मजत  गटाच्या बायलांवरवी  चलयतले. बायलांक सशक्त करपा खातीर आनी तांची अर्थीक स्थिरताय घटमूट करपा खातीर घेतिल्ल्या उपायांचे एक भाग म्हूण राज्य येरादारी मंत्री पी.प्रभाकर आनी बायलां उदरगत मंत्री डी.अनसुया सीताका हांणी संयुक्तपणान ही घोशणा केल्या. ह्या निर्णयाक लागून बायलांच्या आप मदत गटांक अर्थीक सशक्तीकरण मेळटलेंच, पूण गांवगिऱ्या बायलांक भौशीक येरादारी वेवस्थेंत थेट वांटो घेवंक मेळटलो. दरेक बशीक म्हयन्याक ₹70,000 अदमासाक भाड्याचें उत्पन्न मेळटा. सध्या आप मजत गटांनी  152 बशींचें यशस्वी संचालन के ल्ल्यान सरकारान हो  निर्णय घेतला

जयशंकर ४५

विदेश व्हे वार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी जैव सुरक्षा आनी जैव शस्त्रां कबलात बीडब्ल्यूसीक घटमूट करपा खातीर बेगोबेग संवसारीक सुदारणांचो उलो मारलो . जैविक शस्त्रां कबलातीची 50 वर्सां: जागतीक दक्षिणखातीर जैव सुरक्षा घटमूट करप ह्या विशयाचेर नवी दिल्लींत जाल्या परिशदेंत ताणी उलोवप केलें

दितवाह चक्रीवादळ दुबळें जावन उण्या दाबाच्या पट्ट्यात रुपांतरीत जावन  उत्तर तमिळनाडू आनी दक्षिण आंध्राच्या खोल दर्यादेगांचेर मुखार सरता   हाका लागून फुडल्या 24 वरांत तिरुवल्लूर कांचीपुरम आनी चेन्नईतल्या कांय सुवातींनी उतानगरयचो  पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. प्रतिकूल हवामानाक लागून कितल्याशाच जिल्ह्यांनी शाळा बंद दवरपाचो निर्णय प्रशासनं  घेतला .माज्गती हिमाचल प्रदेशात दाट धुकें पडपाचो अदमास उक्तायला फुडल्या दोन दिसांत पंजाब, मध्य महाराष्ट्रआनीमराठवाड्यांत शियांच्या  ल्हारचो अदमास खात्यान उक्तायला

भारतीय रेल्वेन तीन बायलां क्रिकेट खेळगडे प्रतीक रावल, स्नेह राणा आनी रेणुका सिंग ठाकुर हांकां गट बी अधिकारी ग्रेडांत ऑफिसर ऑन स्पेशल ड्यूटी (ओएसडी) पदाचेर बडटी दिल्या.

अंदूंच्या आयसीसी बायलांच्या विश्वचषकांत तांणी केल्ल्या उत्कृश्ट कामगिरी खातीर तांकां बडटी मेळळया अशें रेल्वे मंत्रालयान सांगलें.

चिलींतल्या सैंटियागोत जल्या बायलांच्या एफआयएच हॉकी

ज्युनियर वर्ल्ड कप सारतीत रतान आयज नामिबियाचेर १३आड -०

अशे जैत जोडले

आता परतून एक फावट मुखेल खबरो

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी श्रीलंकेचे राष्ट्रध्यक्ष अनुरा कुमार दिस्नानायके व्यंगडा  फोनाचेर उलवोप केले

मोबायल हँडसेटांच्या  प्रमाणीकरना तपासपा खातीर मोबायल फोनाचेर संचार साथी ॲप प्री-इन्स्टॉल करपाची सुचोवणी सरकारान जारी केल्या.

काशी-तमिळ संगमाची चवथी आवृत्ती आयज उत्तर प्रदेशांतल्या वाराणसीत सुरू जाता

अटल पेन्शन येवजणे खाला 8.34 कोटी वयर लोकांनी नोंदणी केल्या आशे काल लोकसभेंत एका प्रस्नाक जाप दितना अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सांगलें,.

चिलींतल्या सैंटियागोत जल्या बायलांच्या एफआयएच हॉकी

ज्युनियर वर्ल्ड कप सारतीत भा रतान आयज नामिबियाचेर १३आड -०अशे जैत जोडले

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले सांजे स जावण तीस मिंनटाचेर